# तंबाकू विरोधी दिसा निमतान गोंयांत 'क्विट टुडे, क्विट नाव' मोहीम दाखल




संवसारीक तंबाकू विरोधी दिसाचे फाटभुंयेर जागृताय कार्यावळींत वांटेकार जाल्ले कार्यकर्ते.

**खबरां मेज, पणजी**

इंडस हॅल्थ प्लॅसान संवसारीक तंबाकू विरोधी दिसा निमतान गोंयांत जाग्रुताय निर्माण करपा खातीर क्विट टुडे क्विट नाव मोहीम दाखल केल्या. हे कार्यावळीक पणजे आयनॉक्स वाठारांत आरंभ जालो. थंय सिगाराच्या आकाराचो भेस केल्ल्या प्रतिनिधींनी लोकांक धुम्रपान सोडपाक आनी खोसभरीत जिणेशैली आपणावपाक उर्बा दिली. दीसभर चलिल्ले हे कार्यावळींत 300 परस चड लोकांक तंबाकू विशींच्या भयंकर परिणामाची कल्पना दिली. हे विशीं उलयतना इंडस हॅल्थ प्लसाची मार्केटींग कम्युनिकेशन, पालवी वेवस्थापक त्रिशा रॉयन सांगलें: आयची तरणाटी पिळगी फॅशन आनी इश्ट- इश्टिणींच्या दबावाक लागून धुम्रपानाची संवय लावन घेतात. चड करून तरणाट्यां मर्दीं कांक्र आनी पुलमांवाचीं दुयेंसां हांचो धोको वाडला. धुम्रपानाक लागून वास्तवीक पिरायेचे तुळेंत पुलमांवाचें कार्यसंचालन 10 वर्सांनी उणें जाता. आमचे जाग्रुताय मोहिमेक लागून लोकां मर्दीं तंबाकूचो वापर उणो करपा संदर्भांत सकारात्मक प्रभाव पडटलो अशें तिणें सांगलें.